# हॉटेल्स/निवास आस्थापनांक पर्यटन खात्याचो सल्लो

ता. 30 सप्टेंबर 2025

पर्यटन खात्यान गोंयांतले सगळें हॉटेल वेवसायिक/निवास आस्थापनांक विदेशी पर्यटकांच्या डेटा सबमिशन आनी सी-फॉर्म भरपा खातीर TIME सॉफ्टवेअरचे पालन सक्तिचें करपी आदेश जारी केला.

पर्यटन खात्यान TIME (टुरिस्ट इन्फॉर्मेशन मॅनेजमेंट एंटरप्राइज) हे पर्यटकां संबंदीत म्हायती आनी आकडेवारीची नोंदणी सुलभ करपा खातीर डिझाइन केल्ले एक अनिवार्य सॉफ्टवेअर आसा.

गोंयांत सुरक्षित पर्यटन वेवसायाक योगदान दिवपा खातीर सगळें हॉटेल वेवसायिक, गेस्ट हाऊस मालक आनी हेर निवास मालकांनी TIME डेटा सबमिशनाक प्राधान्य दिवचे , जेणे करून जागतिक पर्यटन स्थळ म्हणून राज्याची प्रतिष्ठा सांबाळून दवरपाक मजत जातली.

सगळ्यां पर्यटकांची माहिती दर म्हयन्याच्या 5 तारखे मेरेन https://www.goatourism.gov.in चेर (फॉर्म-XI) सादर करप) TIME सॉफ्टवेअरवर अपलोड करपाक जाय. पर्यटकांची पुराय आनी अचूक म्हायती दिवन ह्या आदेशाचे पालन करप आवश्यक आसा. ह्या आदेशाचे पालन न करपी आस्थापनांआड कादेशीर कारवाय जातली आनी चा ऑपरेटिंग परवानो निलंबित वा रद्द करपाक शकतलो.

TIME च्या आदेशाक पाळो दिवपा वांगडाच विदेशी पर्यटकांक राबीतो दिवपी सगळ्यां निवास आस्थापनांनी C-फॉर्म सादर करप सक्तिचे आसा. सगळ्यां हॉटेल वेवसायिकांनी ह्या आदेशाचे पालन करपा खातीर बेगीनात बेगीन कृती करची. तांत्रिक अडचण आसल्यार 24*7 कॉल सेंटराच्या 1364 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/796

--

------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.